# स्प्लेंडर ऑफ ऑर्चीड विशयाचेर व्याख्यान

ता. 22 फेब्रूवारी 2018
3 फाल्गून 1939

गोंय राज्य जैविक विविधताय मंडळान ता. 28 फेब्रूवारी 2018 दिसा सांजेच्या 3.30 वरांचेर गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्स अ‍ॅण्ड इंडस्ट्रीजच्या परिशद सभाघरात डॉ. सी. सतीश कुमार हांचे 'स्प्लेंडर ऑफ ऑर्चीड' ह्या ऑर्चीड फुलझाडांचे अपरूप आनी सौंदर्य विशयाचेर व्याख्यान आयोजीत केला. डॉ. सतीश कुमार हे त्रिवेंद्रम-केरळ हांगाच्या जवाहरलाल नेहरू ट्रॉपीकल बॉटेनीक गार्डन अ‍ॅण्ड रिसर्च संस्थेचे निवृत्त शास्त्रज्ञ आसात आनी ते भारतीय ऑर्चीड वर्गीकरण शास्त्राचे विशेषज्ञ आसात.

डॉ. सतीश कुमार हे आंतरराष्ट्रीय नामनेचे शास्त्रज्ञ आसून तांका भारतीय ऑर्चीड फूलझाडांचे संकलन, लागवड, वर्गीकरणशास्त्र अभ्यास, पैद्दास जीवशास्त्र अभ्यास, प्रजनन आनी जतन, नेपेंथीस प्रजननासयत मांसभक्षक वनस्पतीचे संकलन, लागवड आनी अभ्यासाचो व्हड अणभव आसा. प्लांट वाँडर्स विशयाचेर ते विद्यार्थी आनी शिक्षकांखातीर कार्यक्रम आयोजीत करतात. तशेंच तांणी चार्ल्स डॉर्विन अ‍ॅण्ड ऑरिजीन ऑफ स्पेसीस, ग्रेगार मेंडेल अ‍ॅण्ड द बर्थ ऑफ जेनेटिक्स, ऑर्चीड अ‍ॅण्ड बॉटेनिकल इलस्ट्रेशन विशयाचेर जागृती कार्यक्रम आयोजीत केल्या.

हो कार्यक्रम सर्वसामान्य लोकांखातीर उक्तो आसून सैम मोगी आनी इत्सूक व्यक्तींनी व्याख्यानाक वेळार हजर रावचे. नावनोंदणी 3.30 वरांचेर सूरू जातली आनी बरोबर 4.00 वरांचेर व्याख्यानाक सुरवात जातली.